# बर्सरी (शिश्यवृत्ती) येवजणेचो लाव घेवपा खातीर विद्यार्थ्यां कडल्यान अर्ज मागयल्यात

ता. 3 फेब्रुवारी 2025

गोंय शिक्षण विकास म्हामंडळान संत सोहिरोबानाथ आंबिये ज्ञानवृध्दी शिश्यवृत्ती (बर्सरी येवजण) येवजणेचो 2023-24 आनी 2024-25 शालेय वर्सा खातीर लाव घेवपाक विद्यार्थ्यां कडल्यान अर्ज मागयल्यात.

गोंय राज्यांतल्या शिक्षणीक संस्थांनी शिकपी आनी कुटुंबाची येणावळ 5 लाख रूपया सकयल आशिल्ल्या विद्यार्थ्यांक हे येवजणे खाला 40,000/- रूपया मेरेन अर्थिक मजत दितात. धावी उपरांत पदविका अभ्यासक्रम, बारावी उपरांत पदवी अभ्यासक्रम आनी पदवी उपरांत पदव्युत्तर अभ्यासक्रम शिक्षण घेवपी विद्यार्थी हे येवजणे खाला अर्ज करपाक शकतात, पुण तांणी पात्रतायेचे निकश पुर्ण करपाक जाय.

पात्र विद्यार्थी हे येवजणेचो लाव घेवपा खातीर 1 फेब्रुवारी ते 17 मार्च 2025 मेरेन अर्ज करपाक शकता. अर्ज आनी अदीक म्हायती खातीर विद्यार्थ्यांनी म्हामंडळाच्या www.gedc-goa.org. ह्या वेबसायटीक भेट दिवची.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/115

--
-----------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.